# छत्रपती शिवाजी महाराज जयंती सुवाळो

## श्री. लहू गायकवाड हांचे फर्मागुडी हांगा व्याख्यान

ता. 12 फेब्रूवारी 2018

23 माघ 1939

गोंय सरकारच्या माहिती आनी प्रसिध्दी खाते आनी बांदोडा ग्रामपंचायतीच्या जोडपालवान सोमार ता. 19 फेब्रूवारी दिसा फर्मागुडी हांगा छत्रपती शिवाजी महाराज जयंती सुवाळ्या निमतान साबार कार्यक्रमाचे आयोजन केला. सुवाळ्यात पुणे हांगाचे इतिहास अभ्यासक डॉ. लहू गायकवाड हांचे शिवाजी महाराजांच्या जीवन कार्याचो आढावो घेवपी व्याख्यान जातले.

फर्मागुडी, फोंडा हांगाच्या श्री गणपती मंदिराच्या प्राकारात सकाळी 9 वरांचेर. मुख्य कार्यक्रमाक सुरूवात जातली. ह्यावेळार गोंयचे मुख्यमंत्री श्री मनोहर पर्रीकर, भौशिक बांधकाम मंत्री श्री. रामकृष्ण ढवळीकर, कला आनी संस्कृती मंत्री श्री. गोविंद गावडे, आमदार रवि नाईक आनी सुभाष शिरोडकर, जिल्हो पंचायत सदस्य सौ. चित्रा फडते, बांदोडेचे सरपंच श्री. रामचंद्र नाईक आनी माहिती आनी प्रसिध्दी खात्याचे सचिव श्री. सुधीर महाजन कार्यक्रमाक उपस्थित रावतले.

श्री. लहू गायकवाड हांणी पुणे हांगाच्या सावित्रीबाई फुले विद्यापिठातल्यान इतिहास विषयात पीएचडी केल्या फाटल्या 20 वर्षासावन ते कला, वाणिज्य आनी विज्ञान महाविद्यालय, नारायणगाव पुणे हांगा सहाय्यक प्राध्यापक म्हूण काम करता.

श्री. गायकवाड हांची साबार पुस्तका प्रसिध्द जाल्यात. अनुपयेय, जुन्नर आनी आंबेगाव तालुक्यातल्या निवडक मंदिराचो इतिहास, शिवनेरी किल्ल्याचो इतिहास, जुन्नर परिसरातल्या किल्ल्यांचो इतिहास, शिवनेरीची जीवनगाथा, हरिश्चंद्रगड, माऊली व रतनगडाचो इतिहास, जुन्नरची लेणी अशा पुस्तकांचो समावेश आसा.

गाथा शिवनेरीची आनी जुन्नर परिसराची, या 24 मिनिटाच्या लघुपटाचे पूर्ण लेखन करून श्री. गायकवाड हांणी ते सादर केला. महाराष्ट्र राज्याच्या स्थापनेक 50 वर्सा पूर्ण जाल्याबद्दल महाराष्ट्र शासनाच्या शैक्षणिक समितीचे सदस्य म्हूण श्री. गायकवाड हांणी काम केले. ह्या समितीन छत्रपती शिवाजी महाराजांचो ग्रंथ तयार केला आनी त्या ग्रंथाची संपादकीय जबाबदारी श्री. गायकवाड हांणी सांबाळल्या.

इतिहास आनी संबंदित विषयांचेर श्री. गायकवाड हांणी साबार शोधनिबंध बरोवन सादर केल्या. तांणी बरयील्या इतिहासाचे धडे इयत्ता 7 वी आनी 8 वी च्या पुस्तकात समाविष्ठ जाल्या.

श्री. लहू गायकवाड हांच्या व्याख्यानाउपरांत माहिती आनी प्रसिध्दी खात्यावतीन राज्यपातळीचेर संवादासयत अभिनय सर्त आनी महाविद्यालयीन विद्यार्थ्यांखातीर प्रश्नमंजूषा सर्त जातली.

चड माहितीखातीर आनी नावनोंदणी करपाखातीर इत्सूकांनी 9422444624 ह्या क्रमांकाचेर व्हॉट्सअॅप करून नावां धाडची वा माहिती खात्याचे माहिती सहाय्यक, श्री. श्याम गांवकर, हांच्याकडेन संपर्क करचो.